## जिल्हा वेंचणूक कार्यालयान आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनयलो
## मतदार जागृतीचेर कार्यक्रम जालो

ता. 7 मार्च 2024

उत्तर गोंय जिल्हा वेंचणूक कार्यालयान आयज दाल्गोदो कोंकणी अकादमी आनी दोनापावलाच्या अवर लेडी ऑफ रोझरी हायस्कूलच्या सहकार्यान दोनापावला जेटीर आयोजीत कार्यक्रमात आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनयलो. ह्या कार्यक्रमाच्यो मुखेल सोयऱ्यो म्हूण उलयताना UDANT च्यो CEO आनी अध्यक्ष श्रीमती अनिता परेरा हांणी ह्या वर्साच्या आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसाची संकल्पना "Inspiration inclusion"चेर उलयताना फाटल्या शतकातल्या बायलांच्या प्रेरणादायी प्रवासाचेर उजवाड घातलो. बायलांनी केल्ले ल्हानव्हड बंड आनी म्हत्वाच्या क्रांतिकारी प्रयत्नांक लागून आयज बायल समाजाक स्वातंत्र्य आनी अनेक अधिकार मेळिल्ले आसात.

ज्या बायलांक आयच्या काळांत सक्षमीकरणाची गरज आसा तांकां आदार आनी प्रेरणा दिवपाची गरज आसा. बायलांनी सगळ्यां आनी खास करून शिक्षणाच्या मळार प्रगती करपाची गरज आसा. जेन्ना समाजात बायलांचो आदर जातलो आनी तांच्या योगदानाची दखल घेतली वतली तेन्नाच बायल मनीस अधिक सक्षम जातली, अशें श्रीमती अनिता परेरा हांणी सांगलें.

ह्या वेळार मतदान प्रक्रियेविशीं जागृताय कार्यक्रम जालो. लोकशाय मजबूत करपात बायलांचे योगदान आनी सहभागाच्या म्हत्वाचेर अवर लेडी ऑफ रोझरीच्या विद्यार्थ्यांनी नाचाचो कार्यक्रम सादर केलो.

SVEEP नोडल अधिकारी प्रो.जेर्वासियो मेंडिस, वेंचणूक आयकॉन समिक्षा देसाय, श्री प्रदीप नाईक, श्री विली गोयस आनी दाल्गादो कोंकणी अकादमीचे वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन शिक्षिका आंतोनेत डिसोझा हांणी केले जाल्यार अवर लेडी ऑफ रोझरी हायस्कूलच्यो प्रिन्सिपल आंतोनेता कुलासो हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/164

---

Issued by the
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.